आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date :10/01/2025 7.20 पीएम

प्रादेशिक खबरो

मुखेल खबरो

1 सरकारचे येवजणेक लागून राज्याच्या गावगिरे अर्थवेवस्थेचे प्रमाण वाडत आसा, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें

2 शाश्वत उदरगतीचें ध्येय साध्य करपा खातीर दर्यांत चड संशोधन करपाची गरज आसा अशें मत केंद्रीय धर्तरी विज्ञान खात्याचे सचीव डॉ. एम. रामचंद्रन हांणी उक्तायलें.

3 राना खात्यावतीन 17 ते 19 जानेवारी 2025 मेरेन काणकोण म्हालातल्या खोतिगांव वन्यजीव अभयारण्यांत तीन दिसाचो 8 वो सवणी महोत्सव जातलो.

4 मडगावच्या रवींद्र भवनान डॉ. मनोहरराय सरदेसाय युवा सृजन पुरस्कार जाहीर केल्यात .

---------

मुखेलमंत्री अहवाल विमोचन

सरकारच्या येवजणेक लागून राज्याच्या गावगिऱ्या अर्थवेवस्थेचे प्रमाण वाडत आसा. गावगिऱ्या वाठारातल्यो बायलो स्वयंपूर्ण जायत आसा, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. राज्याच्या गावगिऱ्या अर्थवेवस्थेच्या

अहवालाचे विमोचन मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी जाले. टाटा इन्स्टिट्यूट ऑफ सोशय सायन्स संघटणेन गोवा लायवलीहूड फोरमच्या सहकार्यान हो अहवाल तयार केला.राज्यांत २०२० ते २०२४ ह्या ४ वर्सांनी ५० टक्के निश्क्रीय आशिल्ले स्वयंसाहाय्य गट सक्रीय जाल्यात. तशेंच ह्याच काळांत स्वयंसाहाय्य गटांत घरकाम करपी मनीस ६० टक्क्यांनी वाडल्यात.केंद्र आनी राज्य सरकाराच्या विवीध येवजण्यांक लागून गांवगिरी अर्थवेवस्था चालीक लावपाक बायलांचो फुडाकार मेळ्ळा. स्टार्ट अप वीलेज एंट्रेप्रेनरशीप प्रोग्राम, प्रधानमंत्री मायक्रो फूड प्रोसेसींग एंटरप्रायझेस सारकिल्ल्या येवजण्यांच्या कारवायेक लागून गांवगिरी अर्थवेवस्था चालीक लागिल्ल्याचें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें.

गोंय राज्य ग्रामीण लायवलीहूड मिशनांत चार वर्सांनी ग्रामीण संघटनांचो वांटो १३१ टक्क्यांनी वाडला. स्टार्ट अप विलेज एंट्रेप्रेनरशीप कार्यावळींत (एसवीईपी) ५५६ टक्क्यांनी वाड जाल्या. प्रधानमंत्री मायक्रो फूड प्रोसेसींग एंटरप्रायजीस (पीएमएफएमयी) चो लाव घेवप्यांचें प्रमाण ४ वर्सांनी २५१ टक्क्यांनी वाडलां. ह्या वेळार ग्रामीण विकास मंत्री गोविंद गावडे हजर आशिल्ले.

-----

एनआयओ स्थापणूक दीस

शाश्वत उदरगतीचें ध्येय साध्य करपा खातीर दर्यांत चड संशोधन करपाची गरज आसा अशें मत केंद्रीय धर्तरी विज्ञान खात्याचे सचीव डॉ. एम. रामचंद्रन हांणी उक्तायलें. शुक्रारा दोना पावलच्या नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ ओशनोग्राफीच्या 60व्या वर्धापन दीसा निमतान आयोजीत केल्ले कार्यावळींत ते उलयताले. ह्या वेळार संस्थेचे संचालक डॉ. सुनील कुमार

सिंग, राष्ट्रीय प्रगत शिक्षण संस्थाचे संचालक डॉ. शैलेंद्र नायक आनी हेर अधिकारी हाजीर आशिल्ले.संवसारांतल्या 72 टक्के वाठारांचो आस्पाव आशिल्लो हो दर्या मनशांक खूब उपेगी पडटा. हाका लागून आमकां अन्न आनी खनिजां मेळटात. धर्तरेवयलो चडसो ऑक्सिजन सूक्ष्म दर्यांतले जीव तयार करतात. धर्तरेचे हवामान दर्या नियंत्रीत करता. तशेंच पर्यटन, उदका येरादारी, सुरक्षीतताय हांचे खातीरय दर्या उपेगी पडटा. पूण आतां मेरेन मनशान फकत 5 टक्के खोल दर्याचो सोद लायला. ९५ टक्के वाठारांनी अजूनय संशोधन जावपाची गरज आसा अशें डॉ. रामचंद्रन हांणी सांगलें.अत्याधुनीक तंत्रगिन्यानाचो उपेग करून दर्यांतल्या साधनांचो सोद घेवपाक जाय. दर्यांत नवी खनिजां मेळपाची शक्यताय आसा. दर्याच्या ल्हारांपसून उर्जा निर्माण करप शक्य आसा. करवत्ती हांगा खाऱ्या उदकापसून गोड उदक तयार करपाचो प्रकल्प सुरु आसा. असो प्रकल्प करपाक सुरवातेक खर्च जाता. पूण हाका लागून फकत धा पयशांनी एक लिटर गोड उदक मेळटा. भारतांत हेर सुवातींनीय अशें प्रकल्प उबारपाक जाय, अशें डॉ. शैलेंद्र नायक हांणी सांगलें.

-------

## 17 ते 19 जानेवारी मेरेन 8 वो गोंय सवणी महोत्सव

राना खात्यान 17 ते 19 जानेवारी 2025 मेरेन काणकोण म्हालातल्या खोतिगांव वन्यजीव अभयारण्यांत 8 व्या गोंय पक्षी महोत्सवाचे आयोजन केला. तीन दिसांच्या महोत्सवात पक्षीप्रेमी आनी वन्यजीव जाणकारांक गोंयच्या समृध्द अशां सुकण्यांच्या जीणेचो अभ्यास करपाची संद मेळटली. तशेंच सुकण्यांच्या जातींचो सांबाळ, वन्यजीव फोटोग्राफी, पक्षी पर्यटन, सुकण्यांची जीण आनी सुकण्यांचे शास्त्र अशां विशयांचेर महोत्सवात भर आसतलो. महोत्सवाच ो उक्तावण कार्यक्रम 17 जानेवारी दिसा इंटरनॅशनल सेंटर गोवा, दोनापावला हांगा जातल ो. राना खात्याचे मंत्री

श्री. विश्वजीत राणे हांच्या हस्तुकीं गोंय राना विकास म्हामंडळाच्यो अध्यक्ष आनी मुख्य सचिवांच्या उपस्थितीत महोत्सवाचे उक्तावण जातले. ह्या वेळार गोंयच्या सुकण्यांच्या जातीवयल्या दोन पुस्तकांचे विमोचन जातले. तशेंच गोंयच्या वन्यजीव अभयारण्यांच्या पक्षी मॅस्कॉटाचे अनावरण जातले.महोत्सवानिमतान सुकण्यांच्या जीणेचेर पक्षीतज्ञांची व्याख्यानां आनी चर्चासत्रां जातली.

उत्तराखंड राना विभागाचे प्रधान मुख्य राना संरक्षक आनी पक्षीतज्ञ डॉ. धनंजय मोहन, पक्षी छायाचित्रकार इंद्रजीत घोरपडे, पक्षीतज्ञ डॉ. प्रणय वैद्य, पर्यावरण तज्ञ डॉ. मधूरा निंफाडकर, पक्षीतज्ञ निरव भट हांची व्याख्यानां आनी चर्चासत्रां जातली.ह्या महोत्सवांत वांटेकार जावपाक नोंदणी करपा खातीर https://birdfestival.goa.gov.in/ ह्या वेबसायटीचेर भेट दिवची. नोंदणी 14 जानेवारीक बंद जातली. नोंदणी शुल्क 3500/- रूपया (विद्यार्थ्यां खातीर 1000/- रूपया) आसा.

---------

वास्को मतदार संघातल्या बुत भाट हांगसल्ल्या बॅडमिंटन कोर्ट तशेंच फ्लड लायट खेळा मैदानाचें उक्तावण खेळामंत्री गोविंद गावडे हांचे हस्तुकी काल सांजवेळा जालें. ह्यावेळार उलयताना मंत्री गावडे हाणें म्हळा, की ५३ कोटी रुपया खर्च करून वास्को शारांत बेगीनाच क्रीडा संकुल उबारपाचें केला. जातुन सगळे तरेच्या सुविधा आसतल्यो. टिळक मैदानाचेर ९ कोटी रुपया खर्चुन कांय महत्वाचे बदल करपाचे थारायल्या जाल्यार आनीक २ कोटी ७० लाख रुपया खर्च करून बुते भाट मैदानाचेर खेळगड्यांक सुविधा उपलब्ध करून दिवपाचें थारायला.

------

तीन युवा कलाकारांक मनोहरराय सरदेसाय युवा सृजन पुरस्कार जाहीर नामनेचे कोंकणी कवी सर्गेस्त मनोहरराय सरदेसाय हांच्या जल्मशती वर्सा निमतान मडगावच्या रवीन्द्र भवनात १८ जानेवारी दिसा एक कार्यावळ घडोवन हाडल्या. ह्या कार्यावळी निमतान रजत अशोक हेगडे, सुप्रिया काणकोणकार आनी ममता दीपक वेर्लेकार ह्या तीन युवा कलाकारांचो डॉ. मनोहरराय सरदेसाय युवा सृजन पुरस्कार भेटोवन भौमान करपाचे आसात.मडगाव रवीन्द्र भवनाचे अध्यक्ष राजेंद्र तालक हांणी ही म्हायती दिली. ह्या निमतान जो उत्सव जाता तातूंत डॉ. सरदेसाय हांणी बरयिल्ल्या गीतांचेर आदारिल्ली संगीत कार्यावळ जातली. तातूंत राजेश मडगावकार, सोनिया सिरसाट, दिव्या चाफाडकार आनी गौतमी हेदे बांबा ेळकार ही गीतां सादर करतली.

डॉ. सरदेसाय हांच्या जीणेतल्या साबार ज्ञात आनी अज्ञात घडणुकांचेर तसेच तांच्या जीणे प्रवासाचेर संजना पब्लीकेशन्स हे प्रकाशन संस्थेन उजवाडायिल्ल्या पुस्तकाचे विमोचन जातले. तसेच रवीन्द्र भवन मडगाव हे संस्थेन १५ ते ३० वर्सां पिरायेच्या तरणाट्यांखातीर काव्य लेखन सर्तीचे आयोजन केला. ह्या सर्तीच्या जैतवंतांक इनामां भेटयतले. ह्यावेळार डा ॅ. सरदेसाय हांच्या वेंचीक फोटवांचे आनी पुस्तकांचे प्रदर्शन रवीन्द्र भवनात मांडपाचे आसून ह्यावेळार मडगावचे आमदार दिगंबर कामत, साहित्यीक उदय भेंब्रे, ज्ञानपीठ पुरस्कार जैतवंत दामोदर मावजो आनी डॉ. मनोहर सरदेसाय हांची धूव माया सरदेसाय हे हाजीर रावतले अशी म्हायती तालक हांणी दिली.

-----

**एसटी विद्याध्र्यां खातीर गगन भरारी शिक्षा येवजण**

आदिवासी कल्याण खात्यावतीन अनुसूचीत जमातीतल्या (एसटी) विद्यार्थ्या ंक अर्थीक मजत दिवपा खातीर गगन भरारी

शिक्ष येवजणेची अंमलबजावणी करपात येता. हे येवजणेचो लाव घेवपा खातीर खात्यान अनुसूचीत जमातीतल्या (एसटी) विद्यार्थ्यां कडल्यान 15 जानेवारी 2025 मेरेन ऑनलायन अर्ज मागयल्यात.

हे येवजणे खाला अनुसूचीत जमातीतल्या विद्यार्थ्यांक जेवण आनी प्रवास खर्चा खातीर अतिरिक्त अर्थीक मजत दितात. तशेंच अनुसूचीत जमातीतल्या दिव्यांग विद्यार्थ्यांक खर्चा खातीर अतिरिक्त अर्थीक मजत दितात. गोंय राज्यांतल्या अनुसूचीत जमाती समाजांतले विद्यार्थ्यी, जांच्या कुटुंबाची वर्सुकीं येणावळ पाच लाख रूपया (Rs.5,00000/-) परस चड ना आनी मान्यताप्राप्त संस्थेत मॅट्रीक उपरांतच्या अभ्यासक्रमात शिकतात, अशें विद्यार्थी हे येवजणेचो लाव घेवपाक पात्र आसात. तशेंच विद्यार्थ्यी नियमीत आनी पुर्ण वेळ विद्यार्थ्यी आसपाक जाय.

हे येवजणे खाला डे-स्कॉलरां खातीर दिवपात येवपी अतिरिक्त देखभाल भत्तो 750/- रूपयां वयल्यान म्हयन्याक 900/- रूपया केला. हॉस्टेलांत रावपी विद्यार्थ्यांचो भत्तो 1,500/- रूपया वयल्यान म्हयन्याक 1,800/- रूपया केला आनी अतिरिक्त दिव्यांग भत्तो 750/- रूपया वयल्यान म्हयन्याक 900/- रूपया केला.

2024-2025 शालेय वर्सा खातीर अर्ज केल्ल्या सगल्यां पात्र विद्यार्थ्यांक वाडिव भत्त्याचो फायदो मेळटलो. शालेय वर्सात 10 म्हयन्यां खातीर शिश्यवृत्ती दितात.

येवजणे खातीरची पात्रताय, नेम, अटी आनी हेर म्हायती https://tribalwelfare.goa.gov.in/ चेर उपलब्ध आसा. विद्यार्थ्यांनी https://cmscholarship.goa.gov.in ह्या मुख्यमंत्री शिश्यवृत्ती पोटला वयल्यान अर्ज करचे. अर्ज धाडपाची निमाणी तारीख 15 जानेवारी 2025 आसा.

---

तॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्र आनी एथरनेट एक्सप्रेस फावंडेशडे नाच्या जोडपालवान 16 जानेवरी 2025 ह्या दिसा सांजेच्या 4.30 वरांचेर 'कोंकणी अस्मिताय दिसाच्या ' निमतान गोंय मुक्ती संग्रामांतली नामनेची स्वातंत्र्यसैनिक श्रीमती शारदा सावयकार हांची एक खास जाहीर मुलाखत केंद्राच्या 'लेटअस ऑनर अवर हिरो स' हे सन्मान मुलाखत मालिकेचे कार्यावळी खाला थरायल्या. ही मुलाखत राजपत्र आनी ईतिहासाक दस्तावेज खात्याचे प्रभारी संचालक डॉ . बालाजी शणै हे घेतले. हाचे पयलीं हे सन्मान मुलाखत माळेखाला नामनेची स्वातंत्र्या सैनिक श्रीमती लिबिया लोबो सरदेसाय (100)

आनी फांकिवंत व्यंग चित्रकार आलेक्सीज (80) हां च्य जाहीर

मुलाखती जाल्यात. आतां गोंय अस्मिताय दिसाक शारदा सावयकार हांची मुलाखत जातली .

शारदा सावयकार मुळांत एक शिक्षिका . तांचे अध्यापन कार्य चालू आसतना मोहन रानडे या नामनेच्या स्वातंत्र्य सैनिकाच्या विचारांचो

तांचेर प्रभाव पडलो. ही मूलाखत प्रवरेच्या तॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्रच्या सभाघरात जातली .

---

बोरी हांगाच्या स्वामी विवेकानंद उच्च माध्यमिक शाळेंत वक्तृत्व सर्त

12 जानेवारीक, युवा दीस, तरणाट्यांक प्रेरणा दिवपी स्वामी विवेकानंदाच्या जल्मदीस. हो मनोवपा खातीर बोरीच्या स्वामी विवेकानंद उच्च माध्यमिक शाळेच्या सभाघरांत राज्य पांवड्यावेली वक्तृत्व सर्त आंतर शाळा (8 वी ते 10 वी) विद्यार्थ्यां खातीर 12 जानेवारीक सकाळीं 9.00 वरांचेर आयोजीत केल्या .शाळेच्या विद्यार्थ्यांक स्वामी विवेकानंदाचे विचार वाचपाक प्रोत्साहन दिवपाच्या हेतान दर वर्सा शाळेच्या सभाघरांत ही सर्त घडोवन हाडटात. सर्ती खातीर दिल्लो विशय 'स्वामी विवेकानंदाच्या भाशणांतले अंश'. सर्तकांक आपले विचार मराठी, इंग्लीश, हिंदी, वा कोंकणी अशा खंयच्याय भाशेंत मांडचे पडटले. ही सर्त चार ते पांच मिनटां चलतली. हे सर्ती खातीर दरेक शाळेंतल्यान एक सर्तक आसपाची अपेक्षा आसा. सर्ती खातीर फकत शाळा आदारीत नोंदणी मान्य जातली. जिखपी सर्तकांक  पयलें इनाम 2000 रुपया आणि प्रमाणपत्र, दुसरें इनाम 1500 रुपया. तिसरे इनाम 1000रूपया ते भायर तीन उर्बा वडोवपि इनामां दरेकीं 750 रुपया दितले. सर्ती उपरांत रोखडोच ईनामा वाटप सुवाळो जातलो. शाळेच्या विद्यार्थ्यांक स्वामी विवेकानंदाचे विचार वाचपाक प्रोत्साहन दिवपाच्या हेतान दर वर्सा शाळेच्या सभाघरांत ही सर्त घडोवन हाडटात.